**Panaji National 26th Dec 2025 8.40 am.**

Pm 130

संसद खेल महोत्सव देशाक हजारांनी प्रतिभावान खेळगडे दिता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान संसद खेल महोत्सवाक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , संसद खेळ महोत्सवाचो प्रमाण खूब वाडला आनी ताचो परिणामूय खूब वाडला. तरणाटे उदरगती वरवीं राष्ट्रनिर्माणाच्या मंत्रान हो खेळां महोत्सव एक घटमूट खांबो जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. जिखप आनी हारपा परस ह्या खेळां वरवीं खेळगडे शिकतात ती खेळगडीपण आनी नितळ खेळपाची भावना सक्षम आनी शिस्तबद्ध तरणाट्यांची उदरगत करपाक योगदान दिता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. 2030 वर्सा अहमदाबादांत भारत राष्ट्रकुल खेळां सर्तीचें आयोजन करतना पुराय संवसाराची आमच्या देशाचेर आसतली अशें तांणी सांगलें. दरेका पालकांनी आपल्या भुरग्यांक खेळपाक प्रोत्साहन दिवचें आनी तांकां खेळपाची संद दिवची अशें आवाहन प्रधानमंत्री हांणी केलें आनी निरोगी कुडी खातीर आनी निरोगी मनाचीय ही एक गरजेची अट आसा अशें तांणी स्पष्ट केलें BYTE

Pm 75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी , फाटलीं 11 वर्सां तांचें सरकार समाजांतल्या दरेका नागरिकाच्या हातान कश्ट घेता आनी भेदभाव करिनासतना सगळ्या येवजण्यांचो फायदो दिता अशे तांणी म्हणला . आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101 जयंती निमतान आनी स्वतंत्र भारताच्या दिग्गजांच्या दायजाचो भोवमान करपा खातीर राष्ट्र प्रेरणा स्थानाचें उक्तावण करून लखनौ हांगा भौशीक रॅलीक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री हांणी अशें सांगलें.सरकारी येवजण्यांचें संतृप्ती हें ताच्या सरकाराचें बोधवाक्य आसा आनी आतां कोट्यांनी गरीब नागरिकांक तांचो फायदो मेळपाक लागला.

Murmu 106

राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत वीर बाल दिसा निमतान प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार भेटयतलयो . बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान ह्या वर्सा 18 राज्यांतल्यान आनी केंद्रीय प्रदेशांतल्या 20 भुरग्यांची ह्या सन्मानाची निवड जाल्या, जांणी ब्रॅव्हरी खेळ आनी समाजसेवे सयत विंगड विंगड मळार उत्कृश्ट कामगिरी दाखयल्या. वीर बाल दिसाच्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भुरग्यांक आनी तरणाट्यांकय मार्गदर्शन करतले अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या. नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत धाडस, लवचीकपण, आनी निस्वार्थ सेवा ह्यो काणयो उजवाडाक हाडटले अशें म्हणलां. देशाचें गिरेस्त संस्कृतीक दायज आनी शौर्याची भावना दाखोवपी सांस्कृतीक सादरीकरणांय आसतली . केंद्रीय बायलां आनी बाल विकास मंत्री अन्नपूर्णा देवीय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावतल्यो

Pm 100

आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत 'वीर बाल दिसाच्या ' निमतान जावपी राष्ट्रीय कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतले . हे निमतान प्रधानमंत्री सभेक मार्गदर्शन  करतले. प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार  विजेतेय ह्या कार्यावळी वेळार हाजीर आसतले. 'वीर बाल दिस' साहिबजादे - बाबा ज़ोरावर सिंग जी आनी बाबा फतेहसिंह जी - श्री गुरू गोविंद सिंग जी हांच्या तरणाट्या पूतांच्या शौर्य आनी त्यागाचो भोवमान करपाखातीर मनयतात. अत्याचाराच्या मुखार  धैराचें प्रतीक आसून ल्हान  पिरायेचेर तांचो शौर्य हो भारताच्या इतिहासांतलो एक मार्मिक अध्याय उरला . ह्या वर्सुकी दिसाची  घोशणा पयलेच खेपे प्रधानमंत्री  मोदी हांणी जानेवारी 2022 वर्सा गुरू गोविंद सिंग जी हांच्या प्रकाश पूरबांत केल्ली.

वीर बाल दिस मनोवपा खातीर सरकार देशभरांत सहभागी कार्यावळी घडोवन हाडटा, साहिबजादेंच्या असामान्य धैरा विशीं आनी सर्वोच्च बलिदानाची म्हायती आनी शिक्षण दिवपा खातीर आनी भारताच्या इतिहासांतल्या तरणाट्या नायकांच्या धैर, बलिदान आनी शौर्याचो भोवमान आनी उगडास करपा खातीर ह्या कार्यावळींनी कथा सांगपाचे सत्र, वाचन, पोस्टर तयार करप आनी निबंद बरोवपाची सर्त, हेरा सयत आसतले. शाळा, बालसंरक्षण संस्था, आंगनबाडी केंद्रां, आनी हेर शिक्षणीक माचयेर हेज  जातलें

Delhi 103

दिल्लीच्यो  मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता आनी केंद्रीय मंत्री मनोहर लाल हांणी काल आदले  प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101व्या जयंती  निमतान राष्ट्रीय राजधानींतल्या 'अटल कॅन्टीन'चें उक्तावण केलें. मिडियाक मार्गदर्शन करतना दिल्लीच्या मुख्यमंत्र्यान शारांतल्या गरजेवंत आनी कामगार लोकांक फकत 5 रुपयांक जेवण मेळटलें अशी एक व्हडली येवजण अशी ताची तोखणाय केली. 45 कॅन्टीन आयज सुरू जाल्यात जाल्यार उरिल्लीं 55 कॅन्टीन फुडल्या 15 दिसांनी उक्तीं जातलीं अशी म्हायती तिणें दिली. मंत्री लाल हाणी , ह्या उपक्रमाक लागून लाखांनी लोकांक फायदो जातलो अशे म्हणला . कोणेंच उपाशीं न्हिदेंत वचूंक फावना अशी अटल बिहारी वाजपेयी हांची  इत्सा पुराय करपाक ह्यो कॅन्टीन सेवा आदार करतले अशें तांणी नदरेक हाडलें.

Railways 150

प्रवाशां खातीर परवडपाची तांक आनी लवचिकपण दवरपाखातीर  रेल्वे कंपनीन आयच्यान लागू जावपी प्रवासी भाड्याची रचणूक तर्कसंगत केल्या. सुदारीत भाडें संरचने खाला उपनगरांतल्या  दोनूय मार्गां सयत उपनगरांतल्या सेवां खातीर आनी सीझन तिकीटां खातीर भाड्यांत बदल जावंक ना.

सुदारीत भाडें फकत आयज वा उपरांत बुक केल्ल्या तिकेटींचेर लागू जाता. आदीं बुक केल्ल्या तिकीटांचेर कसलोच अतिरिक्त शुल्क आसचो  ना. तेजस राजधानी, राजधानी, शतबदी, दुरोंटो, वंदे  भारत, हमसफर, अमृत  भारत, तेजस, हेर देशां सयत मुखेल रेल्वे सेवांच्या सद्याच्या मुळाव्या भाड्यांत मान्यताय मेळिल्ल्या वर्गा प्रमाण मुळावे भाडें वाडपा प्रमाण सुदारणा केल्या. सध्याच्या नेमा प्रमाण आरक्षण शुल्क, सुपरफास्ट सरचार्ज, वा हेर सहाय्यक शुल्कांत कसलोच बदल जावंक ना अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. जीएसटी लागू जावपाची शक्यताय उरतली अशें  म्हणलां.

Sebi 132

गुंतवणूकदारांचें पालन सोंपें करप आनी बाजार प्रक्रिया सुगम करपाच्या हेतान भांडवल बाजार नियंत्रक सेबीन डुप्लीकेट सिक्युरिटीज जारी करप आनी मुळाव्या सेवा डिमॅट खातें (बीएसडीए) चौकटीचो आस्पाव आशिल्ल्या सुदारणांचो संच जाहीर केला. डुप्लीकेट सिक्युरिटीज जारी करपाची प्रक्रिया बेगीन, कार्यक्षम आनी

गुंतवणूकदारांक अनुकूल करपा खातीर सेबीन सोंपे दस्तावेजीकरण प्रक्रियेची चलन कूंड दुप्पट करून पयलींच्या ५ लाख रुपया वेल्यान 10 लाख रुपया मेरेन पावयल्या.सुदारीत नेमा खाला 10 लाख रुपया मेरेन मोलाचीं सिक्युरिटीज आशिल्ल्या गुंतवणुकदारांनी आतां विसंगतींचेर उपाय काडपी आनी प्रक्रिया आडमेळीं उणी करपी उणे कागदपत्रां सादर करच्यो पडटल्यो.

तशेंच सेबीन बीएसडीए पात्रताय थारावपा खातीर वापरिल्ल्या मोलादीक थरांतल्यान झीरो कूपन झीरो प्रिन्सिपल - जेडसीझेडपी बॉण्ड आनी डिलिस्टेड सिक्युरिटीज वगळून बेसिक सर्विसेस डिमॅट खातें - बीएसडीएचे नेम सोपे केल्यात. गुंतवणूकदारांक गुंतवणूक सोंपें करप आनी डिपॉझिटरी भाग घेवप्यां खातीर पालन भार उणो करपाचो हेतू आसा अशें नियंत्रकान सांगलें.

JK 49

पाकिस्तान प्रायोजीत आतंकवादाच्या खर धमक्यां मदीं अंतर्गत सुरक्षा घटमूट करपाच्या यत्नांत जम्मू आनी काश्मीर पुलिसांनी अत्याधुनीक कृत्रिम बुद्धिमत्ता सक्षम सुरक्षा जाळी सुरू करपाची घोशणा केल्या. ही फुडले पिळगेची पद्दत शिमेवयल्या वाठारांनी आनी भितरल्या वाठारांनी पळोवणी, गुप्तचर म्हायती एकठांय करप आनी नेटान प्रतिसाद दिवपाची यंत्रणा वाडोवपा खातीर तयार केल्ली आसा,.

Imd 90

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, छत्तीसगड, झारखंड आनी अस्तंत राजस्थानाच्या कांय वाठारांनी थंड ल्हारांचो अदमास उक्तायला . उत्तर प्रदेश, बिहार, हिमालय, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तराखंड हांचे वयल्या सुवातींनी आयज थंड ल्हारां पातळपाची शक्यताय आसा अशे म्हणला .

TRUMP

नायजेरिया सरकाराच्या विनंती प्रमाण काल वायव्य नायजेरियांतल्या इस्लामिक स्टेट दहशतवाद्यां आड अमेरिकेन हवाई हल्लो केलो अशें अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें आनी हो गट ह्या वाठारांतल्या किरिस्तांव लोकांक लक्ष्य करतालो असो दावो केला. अमेरिकेन वायव्य नायजेरियांतल्या

आयएसआयएस आतंकवाद्यां आड बळिश्ट आनी घातक हल्लो केला अशें ट्रम्प हांणी सोशल मिडियाचेर पोस्टांत सांगलां. अमेरिकेच्या लश्करी आफ्रिका कमांडान सांगलें, वायव्य नायजेरियांतल्या नायजेरियाच्या अधिकाऱ्यांच्या विनंती प्रमाण हो हल्लो केला, आनी तातूंत जायत्या आयएसआयएस दहशतवाद्यांक मरण आयलें. ऑक्टोबराच्या निमाणे कडेन सुरू जाल्ल्या ट्रम्प हांणी नायजेरियांत किरिस्तांव धर्माक अस्तित्वाचो धोको आसा अशी शिटकावणी दिवपाक सुरवात केल्या उपरांत आनी अस्तंत आफ्रिकेंतल्या देशांत लश्करी हस्तक्षेप करपाची धमकी दिल्या उपरांत हो संप जाला.

Sports 47

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियम तिरुवनंतपुरमांत भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं तिसरो टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळ जातलो. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली. पांच मॅचींचे माळेंत यजमानांनी 2-0 अशी आघाडी घेतल्या.